प्रादेशिक खबरो

20.०१.२०२६ @ ७.20 pm

- भाजपचे कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नबीन हांची पक्षाचे नवे अध्यक्ष म्हणून निवड झाली
- गोंयांत आवाजाचें उल्लंघन केल्यार गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ एक लाख रुपया मेरेन दंड घालतले
- विद्यार्थी विज्ञान मंथन (व्ही.व्ही.एम.) गोवा राज्य पांवड्यावेलें शिबिर 2026 बबोळेच्या के.बी. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयांत संपन्न जालें
- आगामी सीनियर बायला एकदिसाच्या करंडक क्रिकेट सरती खातीर गोयचो सतरा सदस्यीय पगड जाहीर केला

भाजपचे कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नबीन हांची पक्षाचे नवे अध्यक्ष म्हणून निवड झाली. भाजपचे राष्ट्रीय वेचणूक अधिकारी डॉ. के. लक्ष्मण हानी नवी दिल्लीत पक्ष मुख्यालयात नबीन हांच्या नियुक्तीची घोषणा केली. हया पदाखातीर फक्त त्यांचे नाव प्रस्तावित केल्यान नबीन यांची बिनविरोध निवड झाली . डॉ. के. लक्ष्मण यांनी माहिती दिली की नितीन नबीन यांच्या वटेन ३७ नामांकन पत्रां प्राप्त झाली. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि केंद्रीय मंत्री अमित शहा, राजनाथ सिंह, जेपी नड्डा आणि नितीन गडकरी यांनी नबीन हांचो भौमान केलो. हेवेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी परबी दितना म्हळे

मोदी हाणी म्हणले की, नबीन हे भाजपचे दायज मुखार व्हरतले. नवनियुक्त भाजप राष्ट्रीय अध्यक्ष हे त्या पिळगेतले आसात ज्यांनी देशात व्हड आर्थिक, सामाजिक आणि तांत्रिक परिवर्तन पळयला. नबीन हांचेकडे तरुणाईची ऊर्जा आणि संघटनात्मक कामाचो व्यापक अणभव आसा जो पक्षाच्या प्रत्येक कार्यकर्त्या खातीर खूप फायदेशीर थारतलो अशे ते उल्यले. भाजपावेलो लोकाचो विश्वास सतत बळकट जाता अशेय मोदींनी अधोरेखित केले. फाटल्या ११ वर्षांत पक्षान जनतेचो विश्वास संपादन करपाचो उल्लेखनीय प्रवास केला . जनतेची सेवा ही सदाच पक्षाची सर्वोच्च प्राथमिकता उरल्या अशे ताणी अधोरेखित केले.Byte नबिन हांका परबी दितना केंद्रीय मंत्री J P नडडा हाणी म्हळे

गोंयांत आवाजाचें उल्लंघन केल्यार गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ एक लाख रुपया मेरेन दंड घालतले . आवाजाच्या नेमाचें उल्लंघन केल्यार गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान खर ख्यास्त जाहीर केल्या, जाल्यार 20 हजार ते एक लाख रुपया मेरेन दंड भरचो पडटलो. 15 अधिसुचीत दीस सोडल्यार, रातच्या 10 वरां उपरांत संगीत वाजोवंक फावना.

आवाजाच्यो कागाळी 8956487938 ह्या नंबराचेर 24x7 कळोवंक मेळटात, आनी हे विशी कारवाय करीत रोखडेच पुलीस आनी उपजिल्होधिकारी मंडळ धाडटात. तशेंच डेसिबल मर्यादा मोडल्यार कारवाय जातली. 38 हॉटस्पॉटांचेर ऑनलायन निरिक्षण सक्रिय आसा. आनी परत परत हो नेम मोडप्याक एक लाख रुपया मेरेन दंड वा त्या आस्थापनाचो परवानो निलंबीत करपाक मेळता अशी म्हायती आयज गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळचे अध्यक्ष डॉ लेविन्सन जे मार्टीन्स हांणी दिल्या. लग्नांतलें संगीत रातच्या 10 वरां मेरेन थांबपाक जाय, कायदो स्पश्ट आसा आनी पाळपाक जाय हाचेर भर दिवचो अशे तांणी ह्यावेळार म्हणला. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ कोळसो हाताळणी आनी बंदराच्या कार्यावळींक लागून वास्कोत पी.एम पातळी खूब वाडटा. वाहनांतल्यान भायर सरपी उत्सर्जन, रस्त्यावयलो धुल्ल, जैवद्रव्य आनी दर्यांतले एरोसोल हांचोय वांटो आसा. तज्ञांनी बरे तरेन निरिक्षण आनी धुल्ल नियंत्रणाचे उपाय करपाची शिफारस केल्य अशिय म्हायती लेविन्सन मार्टीन्स हांणी पणजे घेतिल्या पत्रकार परीशदेत दिल्या.

नार्वे हांगाच्या घाट आरतीच्या विकासा खातीर वर्क ऑर्डर जारी केला . ही घाट आरती हरिद्वार, वाराणसी, नाशिक सारकिल्या न्हंयचे मुखामळाच्या प्रतिकात्मक धर्मीक थळां सारकिल्या भक्तांक, यात्रेकरुंक, पर्यटकांक आकर्शीत करपी मुखेल आकर्शण म्हणून काम करतली अशी म्हायती पर्यटन मंत्र रोहन खंवटे हांणी दिल्या 29 मे 2026 मेरेन काम पुराय जातलें अशी म्हायती हालिच जाल्य शियाळा धिवेशनाच्या प्रस्नाक लेखीजाप दितना मंत्री रोहन खवटे हांनी दिल्या. गोंयांत अध्यात्मिक पर्यटन वाडोवपाच्य नदरेतल्यान राज्य सरकार काम करता, हांतुन वेगेवगल्या धर्मिक थळांचे सोबितीकरण, नुतनीकरण, तशेंच पोरणी धर्णिक थळां जी आजुन exploreजांवक ना, ती उजवाडाक हाडपाच्या फांटभुयेंर अध्यात्मिक पर्यटनाक गोंय सरकार चालना दिता. घाट आरती खातीर साधन सुविदा उबारतना तांतुन पुजा मंडप, आरती खातीर खासा सुवात, भविकांक बसपाक सुवात, तशेंच नौकानयन, तिकीट कांऊंटर, केफेटेरीया,पर्यटन म्हायती केंद्र, फ्लोटींग जेटी, ल्हान बोटी,अशा बाबींचो आसपाव आसतलो.

मेरशे जंक्शनाचेर येरादारी कोंयडीचो प्रस्न सरकारान जाता तितल्य बेगीन सूटावो करचो अशी मागणी काँग्रेसीचे सांत क्रुझ ब्लॉक अध्यक्ष जॉन नाझारेथ हांणी थळाव्या लोकां वांगडा आयज केल्या. हे विंशी केंद्रीय रस्तो आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी, गोंय राज्याच मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत तशेंच morth हांणी हस्तक्षेप करचो अशे पत्रवेव्हार करून हो प्रस्न सूटावो करचो अशी मागनी केला अशी म्हायती नाझारेथ हांणी दिल्या. येरादारीची कोंयडी, रोड ट्राफीक सिंग्नल विथ स्पीड

रडार हांग लावचे अशी मागणी केल्या. ह्यानपयली हांगा ए.आय सिग्नल आशिल्ल, आनी रस्त्याची शिस्त मोडप्यांक तालाव पडटाले. मात ही यंत्रना काडील्लयान आता परत हे संबंधित प्रस्न उप्रासल्या. हाक लागुन अपगाताचे प्रमाण वाडला अशे जोन नाझारेथ हांणी म्हणला.

विद्यार्थी विज्ञान मंथन (व्ही.व्ही.एम.) गोवा राज्य पांवड्यावेलें शिबिर 2026 बोबोळेच्या के.बी. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयांत संपन्न जालें.विज्ञान भारतीच्या मार्गदर्शना खाला, विज्ञान मंडळ गोंय आनी गोंय शिक्षण खात्याच्या सहकार्यान हें शिबिर आयोजीत केल्लें. समारोप सुवाळ्याक एनआयओ गोंयचे मुखेल शास्त्रज्ञ डॉ सुशांत एस नायक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. विज्ञान आनी संशोधनांतल्या करिअराचेर ताणें विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें.गोंयच्या 4094 विद्यार्थ्यांनी व्हीव्हीएम परिक्षे खातीर नोंदणी केल्ली. तातूंतल्यान मे 2020 वर्सा जावपी राज्य पांवड्यावेल्या शिबिरा खातीर 164 विद्यार्थ्यांची निवड जाल्या. ह्या संमेलनाच्यो संयोजक चंद्रलेखा मेस्त्री हांणी चड म्हायती दिली

केपे हांगा दोन दिसाची अखिल भारतीय विद्यार्थी परीशद संघटनेची कैंद्रिय कार्य समितीची बसका श्री दामोदर वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र म्हाविद्यालयात जाली. ह्या दोन दिसाच्या दोन परीशदेत अखिल भारतीय विद्यार्थी परीशद संघटनेच्या कार्यकारणिच्या कामाचो नियाळ घेतलो अशी म्हायती संघटनेचे राश्ट्रीय सरचिटणिस विरेंद्र सिंग सोलंकी हांणी दिल्या. ह्या चर्चेत राश्ट्रीय एकता, अंखडतायेविंशी , राश्ट्रीय अंर्तगत सुरक्षा, एस. आय. आर , हचेरय मार्गदर्शन जाले. तशेंच संघटन नगर ,प्रांत आनी राश्ट्रीय कार्यकारणी विंशीच्या कामाचो आराखडो हचेरुय ह्यावेळार भासाभास जाली. तशेंच संघटनेचे वांगडी वाडोवपाची मोहिम चालीक लावपाचे थारायला. हे शिवाय वन्दें मातरम अखिल भारतीय विद्यार्थी परीशद सामुहिक वन्दे मातरम गायन २३ मार्च ३१ मे मेरेन कार्यावळीचे आयोजन करतले. हे शिवाय बिरसा मुंडा १५० जयंतीच्या फाटंभूयेरं कार्यावळी, विद्यार्थ्यांचे विचार जाणुन घेवपाक हॉस्टेलात रावपी विद्यार्थीचे अर्ज भरुन सर्वेक्षण करपाची मोहिम जातली अशी म्हायती तांणी दिल्या.

Nation book trust of india आनी लोकमान्य कल्चरल फाऊंडेशनच्या, समर्थ फंऊडेशन जोडपालवान गोंयांत पणजे कापाल मैदानाचेंर ४-८ फेब्रुवारी ह्या काळात राश्ट्रीय पावंड्यावेले पुस्तक महोत्सवाचे आयोजन केला अशी म्हायती लोकमान्य कल्चरल

फांडेशनचे अध्यक्ष किरण ठाकूर हांणी आयज पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या. गोंयात पयलेच फावट जावपी ह्या पुस्तकाच्या महोत्सवात देशभराते २५० पुस्तक विकपी वाटो घेतले. ह्या निमतान वाचकांक नामनेचे लेखकांची पुस्तका, प्राचीन साहित्य, तशेंच कविता, कांदबरी आनी हेर साहित्य वाचपाक मेळपी पुस्तका उपलब्ध आसतली. महोत्सवाचे उक्तावण गोंय राज्याच मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले. देशातल्या वेगवेगळ्या राज्यात Nation book trust of india वतीन असा पुस्तक प्रदर्शनाचे आयोजन करतात, तशेच ह्या पुस्तक प्रदर्शनाक वाचप्यांकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळटा अशी म्हायती ह्यावेळार दिला. गोंयातले कोंकमी, मराठी, इंग्लिश लेखकांचे सत्र ह्यावेलार आयोजित केला. शाळा, म्हाविद्यालयांचे विद्यार्थी तशेंच शिक्षक, हे शिवाय पुस्तक प्रेमी वाचक ह्या महोत्सवात वाटो घेतले.

फाटल्या 13 म्हयन्यांत संस्थेच्या सर्जिकल डिसिप्लिन विभागान हजारां वयर रोबोटिक शस्त्रक्रिया केल्यात आनी देशांत शस्त्रक्रिया उपचारांत म्हत्वाची उदरगत जाल्या अशें नवी दिल्लीच्या अखिल भारतीय वैजकी विज्ञान संस्थेन सांगलां. आयज पत्रकार परिशदेंत उलयतना शस्त्रक्रिया विशय विभागाचे मुखेली प्राध्यापक सुनील चुम्बर हांणी सांगलें, परंपरीक उक्त्या शस्त्रक्रिया परस रोबोटिक शस्त्रक्रिया करून शस्त्रक्रिया उपरांतची वेदना 50 टक्क्यांनी उणी जाल्या. रोबोटिक प्रक्रिया करपी दुयेंतींक 30 टक्के उण्या मोलान हॉस्पिटलांत रावचें पडलां,

आगामी सीनियर बायला एकदिसाच्या करंडक क्रिकेट सरती खातीर गोयचो सतरा सदस्यीय पगड जाहीर केला आनी विनवी गुरव पगडचे फुडारपण करतले. स्पर्धा झारखंडतल्या रांचीत सहा फेब्रुवारीपासून जातली. गोय्चो एलिट क गटात समावेश आसा

प्रमोद भगत आनी सुकांत कदम या भारतीय बॅडमिंटनपटूंनी इजिप्त हांगा सुरू आशिल्या पॅरा आंतरराष्ट्रीय स्पर्धेत घसघशीत यश मेळयले .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३०.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 18.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले